Panaji regional news 08.06.2025,,7.20pm

**मंत्री नरेंद्र 125**

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज विकसित भारताच्या प्रवासात बायलांनी निभायील्या परिवर्तनकारी भूमिकेचेर उजवाड घालो आणि फाटल्या ११ वर्षात बायलांच्या फुडारपणाखाला जाल्या विकासाचेर सरकारचे लक्ष अधोरेखित केले. केंद्रातले एनडीए सरकार ११ वर्षे पूराय करत असताना, विज्ञान, शिक्षण, खेळ स्टार्टअप्स आणि सशस्त्र दलांसयत सगळ्या क्षेत्रांत बायला उत्कृष्ट कामगिरी करतात आणि कितलेशेच लोकांक प्रेरणा दिनात हाची पुष्टी मोदींनी केली. स्वच्छ भारत अभियाना वरवी प्रतिष्ठा, जनधन खात्यां वरवी आर्थिक समावेश आणि तळागाळातले सक्षमीकरण. उज्ज्वला योजना, मुद्रा रीणाक लागुन लाखानी बायला उद्योजक जाली आणि त्यांची स्वपना स्वतंत्रपणान पुराय करूक शकली हाचेर मोदींनी भर दिला. पंतप्रधान आवास योजनेअंतर्गत महिलांच्या नावार घरा दिल्यान त्यांच्या सुरक्षिततेचेर आणि सक्षमीकरणाचेर कसो उल्लेखनीय परिणाम जाला हेय त्यांनी अधोरेखित केले. बेटी बचाओ बेटी पढाओ मोहिमेची याद करून दिली, ज्याचे वर्णन त्यांनी चलयांच्या संरक्षणाखातीर एक राष्ट्रीय चळवळ म्हणून केले

**प्रमोद सावंत**

बांबोळेचे गोंय वैजकी म्हाविद्यालय इस्पितळात भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी भेट दिवन मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ. रुद्रेश कुट्टीकार हांकां सेवेंतल्यान निलंबीत करपाचे आदेश जारी केल्ले. भलायकी मंत्र्याच्या ह्या निर्णयाचेर टीका जाले उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज 3एक ट्विट जारी करून डॉ. रुद्रेश कुट्टीकार हांकां निलंबीत करचे नात, अशे स्पष्ट केले. राज्य सरकार आनी वैजकी अधिकारी गोंयचे जनतेक दर्जेदार सेवा दिवपाक कटिबद्ध आसा. हे

प्रकरणी भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांचे कडेन हांवे चर्चा केल्या, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

बांबोळेचे गोंय वैजकी महाविद्यालयात भलायकी मंत्री राणे हांणी शेनवारा ७ जुनाक भेट दिवन कामाची पळोवणी केली. ह्या वेळार तांणी डॉ. कुट्टीकार हांचेर कामांत हलगर्जीपणां केल्ल्याचो आरोप करीत सेवेंतल्यान निलंबीत करपाचे आदेश जारी केल्ले.

डॉ. कुट्टीकार गोमॅकोंत उपचारा खातीर दाखल जाल्ल्या एका दुयेंती कडेन वायट वागिल्ल्याची कागाळ भलायकी मंत्र्याकडेन आयली. हाचे उपरांत भलायकीमंत्र्यानी ही कारवाय केली.

## शेतकी संशोधन

पोन्ने गोंयच्या भारतीय शेतकी संशोधन केंद्राचे संशोधन अधिकारी राज्यांतल्या साबार गांवांक भेटी दिंवन माती परीक्षण करतले. १२ जून मेरेनच्या ह्या मोहिमेत उसकई , बस्तोडा, मार्ना शिवोली , अंजुणे , कांदोळी , चोडण , आगशी , करमळी , गोवा वेल्हा अश्या उत्तर आनी दक्षिण गोंयातल्या कांय गांवांचो आसपाव आसा. पीक वाडोवपाचे आसत जाल्यार जमीनीतली पोशक तत्वां खबर आसूंक जाय आनी म्हणून माती परीक्षण गरजेचें आसा अशे भारतीय शेतकी संशोधन केंद्राचे संशोधन अधिकाऱ्यांनी सांगलां. माती परीक्षणांवरवी , जमीनीत खयंचे पिक घेवंचे ? कसलें सारें वापरचे वा तत्सम माहिती मेळटली.

## 110 शालान्त

ज्या विद्यार्थ्यांनी धावी वा इकरावेची परीक्षा गोंय सोडून हेर शालान्त मंडळा कडल्यान दिल्या तांकां गोंयांत इकरावी वा बारावे खातीर प्रवेश जाय आसल्यार गोंय शालान्त मंडळाचें पात्रता प्रमाणपत्र घेवप गरजेचें आसा. हें पात्रता प्रमाणपत्र दिले बगर खंयच्याच विद्यालयान हेर मंडळांच्या विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिवचो न्हय, अशें परिपत्रक शालान्त मंडळान जारी केलां. परिपत्रका पयलीं प्रवेश

दिल्ल्यान १५ जून पयलीं अशा विद्यार्थ्यांची शालान्त मंडळाकडेन नोंदणी करपाचे निर्देश मंडळान दिल्यात. प्रवेश घेवंक ना जाल्यार विद्यार्थ्यांनी शालान्त मंडळाचे वेबसायटीचेर प्रमाणपत्र तशेंच हेर म्हायती सादर करून ४०० रूपया शुल्क भरून पात्रता प्रमाणपत्र मेळोवप गरजेचें आसा. सगळी म्हायती आनी शुल्क भरल्या उपरांत पात्रता प्रमाणपत्र डावनलोड करप शक्य जातलें. हें प्रमाणपत्र उच्च माध्यमीक विद्यालयाक सादर केले उपरांतूच तांका उच्च माध्यमीक विद्यालयांत प्रवेश मेळप शक्य जातलें.

**आकाशवाणी**

आकाशवाणी आज ९० वर्षें पूराय करता. ८ जून १९३६ वर्सा भारतीय राज्य प्रसारण सेवेचे नाव ऑल इंडिया रेडिओ (एआयआर) अशे दवरले. हो दिस देशाच्या सांस्कृतिक, माहिती आणि प्रसारण इतिहासातलो एक खास खीण, जय एका आवाजाचो जन्म जालो जो पिळग्यान पिळगी प्रतिध्वनीत उरतलो. आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या खबरे प्रमाण, ७ जून १९३६ क, जादू सुरू जावपाच्या एक दिस पयली ऑल इंडिया रेडिओच्या तत्कालीन अधिकृत मासिक द इंडियन लिसनरच्या पयल्या पानार आकाशवाणीविशीची संसाराक  घोषणा केली. आकाशवाणीचे दिल्ली स्टेशन एक अशे केंद्र जाले जय आवाजांक पंख मेळले आणि इतिहासाक माइक मेळलो. या शांत वणटीतल्यान अशे प्रतिध्वनी निर्माण झाले ज्यांनी एका राष्ट्राक आकार दिलो जो तेन्ना सावन  भावपूर्ण आणि अविस्मरणीय उरला. स्वातंत्र्या उपरांत, आकाशवाणीचो विस्तार झपाट्यान जालो आणि १९५६ त "आकाशवाणी" हे नाव स्वीकारले. आज, आकाशवाणी ५९१ केंद्रे चलयता, जी भारताच्या ९८ टक्के लोकसंख्ये मेरेन पावतात., २३ भाषा आणि १४६ बोलींत प्रसारण जाता. आकाशवाणीचो बाह्य सेवा विभाग १०० हून अधिक देशांत प्रसारण करता, भारताचो आवाज जागतिक स्तरार मांडता आणि विदेशातल्या भारतीय समुदांयाकडे जोडता. "बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय" या उदात्त आदर्शाक अनुसरून, आकाशवाणीचो खबरा .सेवा विभाग (NSD) या

विशाल देशातल्या प्रत्येक रहिवाशाक वेगवेगळ्या भूप्रदेशांत, २४X७, सगळ👌 जादू सुरू जावपाच्या एक दिस पयलीयो प्रमुख भाषा आणि बोलींनी बातम्यो आणि विचार प्रदान करपायो

**जमनीच्यो सनदी**

19 december 2025 वन हक्क कायद्याप्रमाण जमनीच्यो सनदी दीवपाची प्रक्रीया पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.गोयात आता मेरेन सुमार 10500 अशे अर्ज प्रलंबीत आसात,हातुल्ले सुमार दोन हजार अर्ज निकालात किडल्यात ,जाल्यार उरील्ले सुमार 8 हजार अर्ज 19 डीसेंबर मेरेन निकालात काडटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.जमनीच्यो सनदी दीवपाच्या फांटभुयेर काणकोण,केपे,सांगे,धारबांदोडा,फोण्या आनी सत्तरी ह्या आदीवासी समाजाची चड लोकसंख्या आशील्ल्या आनी अशी जमनीची प्रकरणा आशील्ल्या म्हालात 14 जुनाक खासा शिबीर घेंवन सनदी संबंधीची प्रक्रीया सुरू करतले. अर्जदारांनी ह्यावेळार आवश्यक कागदपत्रा हाडुन ह्या शीबीराचो लाव घेवन जमनीचे सनद मेळोवपाक फुडाकार घेवचो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

**महसुली प्रकरणांची वळेरी**

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी न्यायालयात महसुली प्रकरणांची वळेरी वाडत आसा. हे लक्षात घेवन प्रलंबित आशिल्ले दावे बेगीन सोडोवपाखातीर दर सोमारा सकाळीं खाशेल्या न्यायालयांत सुनावणी घेवपाचो आदेश जारी जाला. प्रलंबित आशिल्ली प्रकरणां तीन म्हयन्यात हातावेगळी करची अशी सुचोवणी दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांणी दिल्या . दक्षिण गोंयांतल्या सगळ्या महसूल आयुक्त आनी उपजिल्होधिकारांच्या पांवड्यार दर सोमारा सकाळीं खाशेली न्यायालयीन अधिवेशन घेवचें. सोमारा सकाळीं अधिवेशनांत पक्षकार आनी तांचे अधिकृत प्रतिनिधी वा वकील सुनावणेक हाजीर रावंक शकनात जाल्यार सगळ्या पक्षांक तांच्या सोयी प्रमाण पर्यायी तारखो  दिवच्यो मात ह्या कार्यालयात चलपी नित्याच्यो केशी सदचे प्रमाण चालू आसतल्यो

**सोलर रुफ टॉप**

2027 मेरेन गोंयांत पर्यावरण पुरक उर्जेचो उपेग करपाच्या हेतान सौर उर्जेवरवी 21 हजार 200 सोलर रुफ टॉप बसवपाची मोख राज्य सरकारान दवरल्या. घरगुती उपेगाखातीर सौरउर्जेच्या वापर सच्या कामां खातीर करता. 21,200 सोलर रुफ टॉप लागी लागी 65 मेगा वेट उर्जा निर्मिती करुंक शकता, जाल्यार मद्यम वर्गीय घरब्याक प्रधानमंत्री सुर्य घर , मुफ्त बीजली येवजणेचो चडान चड लाव मेळोवन दिवपाक रिन्यवेबल एनर्जी खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी लोकामदी चडान चड जागृताय करची असो आदेश मुखेलमंत्र्यान संबंधित अधिकाऱ्यांक दिला

**योग दिसानिमतान**

आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमतान 21 जून क आपल्या संबंदीत कार्यालयांची सुवात वा आपल्या लागीची शाळा, कॉलेज, पंचायत, नगरपालिका वा खंयच्याय हेर संस्थेत आयोजीत योग शिबिरांनी सगळ्यां सरकारी कर्मचाऱ्यांनी वांटो घेवप सक्तीचें आसा, असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन खात्यान जारी केला.तशेंच आपल्या खात्याचे कार्यालय/संस्थे भायल्या योग सत्रात सहभागी जावपी कर्मचाऱ्यांनी सहभागी जाल्ल्याचो पुरावो म्हूण आपल्या खात्याचे मुखेली/कार्यालयाक स्वताचो फोटोग्राफ सुपुर्द करपाक जाय. मजगती, सगळीं खातीं /कार्यालयां/स्वायत्त संस्थां/म्हामंडळांच्या मुखेल्यांनी आपली खातीं आनी उपकार्यालयांनी 21 जूनाक योग सत्रां आयोजीत करपाची सगळीं आवश्यक वेवस्था करपाची आनी योग सत्रां घेवपाक संपर्क करपी संघटनांक आपल्या कार्यालयांनी सुवात उपलब्ध करून दिवपाचो आदेश दिला.